Akashvani Panaji Goa

Regional News

7.25am 10.06.24

STORY

नरेंद्र मोदी हांणी सेगीतं तिसरे खेपे भारताचे प्रधानमंत्री म्हूण सोपूत घेतलो. काल सांजवेळा राष्ट्रपती भवनांत जाल्ल्या सुवाळ्यांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी मोदी आनी नव्या मंत्रीमंडळाच्या वांगड्यांक पदाचो आनी गोपनीयतेचो सोपूत दिलो. ह्या सुवाळ्यांत 30 मंत्रीमंडळ मंत्री, पांच राज्यमंत्री (स्वतंत्र प्रभार) आनी छत्तीस राज्यमंत्र्यांनी सोपूत घेतलो. भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी राजनाथ सिंग, अमित शाह, नितिन गडकरी, डॉ एस जयशंकर, पीयूष गोयल, धर्मेंद्र प्रधान, निर्मला सीतारमण आनी जगत प्रकाश नड्डा हांणी कॅबिनेट मंत्री म्हणून सोपूत घेतलो.

शेजारच्या देशांतले आनी हिंद म्हासागराच्या वाठारांतले कितलेशेच फुडारी सोपूत विधी सुवाळ्याक हाजीर आशिल्ले. उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर, भारताचे सरन्यायाधीश डॉ डी वाय चंद्रचूड आणि काँग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे हांच्या संयत सयत जायते मानेस्त आनी वेगवेगळया राज्यांचे मुख्यमंत्रीय ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

STORY

अन्न आनी वखदां प्रशासनान, संवसारीक अन्न सुरक्षा दिसा निमतान पणजेंत खासा कार्यावळ आयोजित केल्ली. ह्या कार्यावळींत 'अन्न सुरक्षा प्रशिक्षण आनी प्रमाणीकरण ' ह्या विशयांचेर ५० जणांक खासा मार्गदर्शन दिलां. अन्न प्रक्रिया उद्देगातले वेवसायीक तशेंच ह्या वेवसायात मुखार येवंक सोदपी इत्सूक ह्या खासा कार्यावळीत वांटेकार जाल्ले. अन्न आनी वखदां प्रशासनाच्यो संचालक ज्योती सरदेसाय ह्या वेळार खासा सोयऱ्या म्हूण हाजीर रावल्यो. अन्नाक लागून जावपी रोगांचो प्रसार थांबयतले जाल्यार अन्न सुरक्षा प्रक्रिया समजून घेवंची पडटली अशें तांणी सांगले. अन्न सुरक्षा अधिकारी साफिया खान हांणी येवकाराचे उलोवप केले. अन्न सुरक्षेविशीच्या वेगवेगळया विषयांचेर ह्या वेळार मार्गदर्शन केलें.